**Panaji regional news 30 .09.2025 7.20pm**

**म्हाजे घर**

म्हाजे घर येवजणे खाला अर्जदारांक जमनीचे दर गोंयच्या मंत्रीमंडळान आयज मान्यताय दिली. 2014 वर्सा पयलीं अतिक्रमण केल्ली सरकारी जमनीचेर सकयल दिल्ल्या रचणुके प्रमाण शुल्क भरले उपरांत पयल्या वर्गाचे सनद दितले.1972 पयलीं अस्तित्वांत आशिल्ल्या घरांक दर चौखण मिटराक 25 रुपया शुल्क आकारतले. तशेंच ते १९८६ ह्या काळांत बांदिल्ल्या घरांक दर चौखण मिटराक उण्यांत उण्या वर्तुळ दराच्या ५०% शुल्क आकारतले. जाल्यार 1987 ते 2000 ह्या काळांत बांदिल्ल्या घरांक दर चौखण मिटराक उण्यांत उण्या वर्तुळ दराच्या 75% शुल्क आकारतले.2001 ते 2014 ह्या काळांत बांदिल्ल्या घरांक सर्कल दरा प्रमाण उण्यांत उणो जमनीचो दर फारीक करचो पडटलो.पात्र अर्जदारांक 400 चौखण मीटर सुवातीची मर्यादा आसा.

कम्युनिदाद जमनीचेर अतिक्रमणां खातीर वर्सा प्रमाण दर थारायल्यात. वट्ट मालमत्तेच्या मोलाच्या 20% अतिरिक्त दंड अर्जदिराक भरचे पडटले. कम्युनिटीज जमनीचेर पात्र अर्जदारांक 300 चौखण मिटर मेरेन जमीन मेळूं येता, तातूंत तांच्या राबित्याच्या घराचो वाठार आनी घराच्या आशी कुशीक सगळ्या वटांनी दोन मीटरां मेरेन लागसारचो वाठार आसपावीत आसा. अर्जदारांनी दिल्ले पयशे थेट त्या त्या कम्युनिदादीच्या खात्यान जमा करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी दिली.

**बीएसएनएल**

राज्यांत फोर जी टोवर्स उबारपा खातीर गांवगिऱ्या वाठारांतल्या 52 गांवांची

निवड बीएसएनएलान  केल्या. तातुंतल्या 30 गांवांनी 4जी सेवा कार्यरत जाल्या. ते भायर 191 ग्रामपंचायतींनी भारत नॅट प्रकल्पाखाला ऑप्टिकल फायबर इंटरनॅट जोडणी दिल्या, अशी म्हायती भारत संचार निगम लिमिटेडचे सरवेवस्थापक एल. बी. लाल हांणी दिल्या.

1 आॅक्टोबराक बीएसएनएलाक 25 वर्सा पुराय जातात. बीएसएनएलाच्या रुप्या महोत्सवाचे फाटभूंयेर लाल हांणी बीएसएनएलाच्या गोंय मुख्यालयात घेतिल्ले पत्रकार  परिशदेंत ही म्हायती दिली.

1 ऑक्टोबर 2001 बीएसएनएलाची थापणूक जावन 1 ऑक्टोबर 2025 त 25 वर्सां पुराय जातात.  ह्या 25 वर्सांच्या काळांत आमी खूब चडटी देंवती पळयल्या, अशें लाल हांणी म्हणलें.

**“ड्राय डे” ता. 80**

अबकारी आयुक्ताच्या कार्यालयान  2 ऑक्टोबर 2025 दिसा महात्मा गांधी जयंती दिसाच्या फांटभूंयेर राज्यांतली सगळीं सोरो विक्री दुकानां आनी आस्थापनां बंद दवरपाचो आदेश दिला.

राष्ट्रपीता महात्मा गांधी हांका आदर म्हूण आनी तांका आर्गां ओपपा खातीर गृह खात्यान  2 ऑक्टोबर 2025 दिसा राज्यांतले सगळें कासिनो बंद दवरपाचो आदेश दिला.1 आनी 2 ऑक्टोबराच्या मध्यान राती सावन म्हणजे 12.00 वरा सावन ते 2 आनी 3 ऑक्टोबराच्या मध्यान राती मेरेन म्हणजे 12.00 वरा मेरेन 24 वरां खातीर राज्यांत चलपी सगळें कासिनो बंद आसतले.

**डॉ. फ्रान्सिस लुईस 160**

मडगाव: नामनेचे विचारवंत, देशभक्त,अर्थशास्त्रज्ञ आनी पुर्तुगालच्या संसदेत गोंयचे प्रतिनिधीत्व करपी खासदार डॉ. फ्रान्सिस लुईस गोम्स हांची १५६ वी पुण्यतिथ आयज मडगाव आनी नावेली ह्या दोन सुवातींनी सरकारी पावंड्यार मनयली. ह्यावेळार उलयताना मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी डॉ. गोम्स हे कट्टर देशप्रेमी आशिल्ले. पुर्तुगालच्या संसदेत तांणी गाेंयच्या स्वातंत्र्याची मागणी दवरिल्ली. अशा ह्या म्हान नेत्याचो आदर्श आयच्या विद्यार्थी आनी तरनाट्यांनी आपल्या मुखार दवरपाक जाय असे आवाहन तांणी केले.मडगावची कार्यावळ कोमुनिदाद इमारतीच्या मुखार जाली. ह्यावेळार दिगंबर कामत हांणी डॉ. गोम्स हांच्या पुतळ्याक हार घालून तांकां आर्गां ओंपली. नावेलीची कार्यावळ नावेली अस्मिताय भूंय ह्या सुवातेर जाली. फ्रान्सिस लुईस गोम्स

प्रतिष्ठानाचे संस्थापक लुईझिन फालेरो हांणी सगल्यांक येवकार दितना डॉ. फ्रान्सिस लुईस गोम्स हांची जयंती आनी पुण्यतीथ सरकारान राज्य पावंड्यार मनोवपाचो निर्णय घेतिल्ल्यान ह्या निर्णयाक आपूण येवकार दिता अशें तांणी सांगलें.